Panaji

प्रादेशिक खबरो

27.10.2025 @ 7.20 pm

- गिरेस्त दर्यावेल्या दायजाक लागून गोंय आयज परंपरा, तंत्रगिन्यान, आनी टिकावूपण हांचे परिपूर्ण मिश्रण दाखयता  अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला
- कोंकणी भाशा आनी साहित्या खातीरचो ओंदुचो विमला वी. पै विश्व कोंकणी पुरस्कार गोंयच्या तीन नामनेच्या व्यक्तीमत्वांक वेगवेगळया मळार तांच्या योगदाना विशीं फावो जाला
- मडगावां गांधी शिल्प बाजाराचे उद्येगमंत्री मौवीन गुदीन्हो हांचे हस्तुकी उकतावण जालें

केंद्रीय गृहमंत्री आणि सहकार मंत्री अमित शहा यांनी आज मुंबईत इंडिया मेरीटाईम वीकचे उक्तावण केले. या वेळार उलयतांना शाह हाणी म्हणले की, भारताचो दर्या दृष्टिकोन सुरक्षितता, स्थिरता आणि आत्मनिर्भरतेर आधारित आसा.हालीच्या काळात केल्या व्यापक संरचनात्मक सुधारणानी भारत एक मजबूत दर्या शक्त म्हणून उदेता.

गोंय राज्याक  गिरेस्त दार्यदिग  वाठार  फावो जाला. गिरेस्त दर्यावेल्या दायजाक लागून गोंय आयज परंपरा, तंत्रगिन्यान, आनी टिकावूपण हांचे परिपूर्ण मिश्रण दाखयता  अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.Uniting Oceans, One Maritime Vision, ह्या संकल्पनेवरवी  मुंबय आयज India Maritime Week 2025 ह्या कार्यावळीचे आयोज केल्ले. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत  उलयताले.

ह्या कार्यावळीक केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री  अमित शाह, केंद्रीय बंदर, जहाज आनी उदका मार्ग मंत्री सरबानंद सोनोवाल महाराष्ट्राचे मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस, गुजरातचे मुखेलमंत्री भूपेंद्र पटेल, ओडिशाचे मुखेलमंत्री मोहन चरण माझी , केंद्रीय एमओएस शांतनू ठाकुर ,महाराष्ट्राचे उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे,राश्ट्रवादी पक्षाचे फुडारी अजीत पवार , आनी हेर ह्यावेळार हाजीर आशिल्ले.

ह्यावेळार दर्या वेवस्थापनाच्या  तशेच  दर्याचों अमृत काल सुरू करपाचो भारताचो सामुहीक संकल्प हे विशी चर्चा जाली.भारताच्या दर्यामदी गोंयराज्याची म्हत्वाची भुमिका दाखोवपाचो गोंय व्हड अभिमान बाळगता आनी ताच्या सागरमाला, पीएम गति शक्ती, आनी दर्यावेळ व्हिजन 2030 वरवीं बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्रालयाच्या आदारान गोंयच्या

दर्यावेल्या परिदृश्यांत जोडणी, गुंतवणूक, आनी तरणाट्यांच्यो संदी वाडल्यात अशें मुखेलमंत्र दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. गोंय सरकार पर्यावरणपुरक जहाज येरादारी, टिकावू दर्यादेगेची उदरगत, आनी आत्मनिर्भरता, टिकावूपण, आनी सामायिक के ल्ली समृध्दी हांणी चालना दिवपी विकसित भारत @2047 ची नदर हांचे खातीर प्रतिबद्ध आसा असो उल्लेख तांणी केलो.

अमेरिकेंतल्या टोरोंटो हांगा हालींच जाल्ल्या आंतरराष्ट्रीय दक्षिण आशिया प्रादेशीक चित्रपट महोत्सवांत उत्कृश्ट लघुपटाचो पुरस्कार फावो जाल्ल्या 'आसेसांव' ह्या लघुपटाचे लेखक, दिग्दर्शक आनी सिनेमॅटोग्राफर मांगिरीश बांदोडकर आनी उत्कृश्ट अभिनेत्रीचो पुरस्कार फावो जालली प्रशांती तळपणकार हांचें कोंकणी भाषा मंडळ आनी अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेन अभिनंदन केलां. बावीस भासांतल्या एकशें वीस चित्रपटांतल्यान कोंकणी भाशेंतल्या चित्रपटान मेळयिल्ल्या यशाचो आमकां अभिमान आसा अशें कोंकणी भाशा मंडळाची अध्यक्ष रत्नमाला दिवकार आनी अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचे कार्यकारी अध्यक्ष चेतन आचार्य हाणी प्रसिध्दी पत्रकांत म्हणलां. "जिणे कडेन सकारात्मक नदरेंतल्यान पळोवपी आनी कॅन्सरा सारक्या भिरांकूळ दुयेंसाचेर जैत मेळोवन आंतरराष्ट्रीय नामना मेळोवपी प्रशांती तळपणकार हिचें खास अभिनंदन," गोंयांत प्रतिभावान कलाकारांचो उणाव ना, पूण सरकारा कडल्यान गरजेची अर्थीक मजत मेळळयार गोंयकारां कडेन आकाशाक गवसणी घालपाची तांक आसा हें ह्या पुरस्कारांनी सिद्ध केलां, अशें निवेदनांत म्हणलां. आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाचें केंद्र आशिल्ल्या गोंयांत चित्रपट निर्मितीक सरकारा कडल्यान योग्य तेंको मेळटलो अशी दोनूय संस्थांनी आस्त परगटायल्या.

कोंकणी भाशा आनी साहित्या खातीरचो ओंदुचो विमला वी. पै विश्व कोंकणी पुरस्कार हालींच गोंयच्या तीन नामनेच्या व्यक्तीमत्वांक वेगवेगळया मळार तांच्या योगदाना विशीं फावो जालो. अंदूंचो विमला वी. पै विश्व कोंकणी जीवन सिद्धी सन्मान हो प्रतिश्ठेचो सन्मान पुंडलीक नारायण नायक हांकां तांच्या कोंकणी साहित्य, नाट्य आनी सांस्कृतीक मळार मोलादीक योगदान दिल्ले खातीर जाहीर केला.जाल्यार विमला वी. पै विश्व कोंकणी साहित्य कृती पुरस्कार साहित्यकार भालचंद्र गांवकार हांकां तांच्या साहित्यीक कृतींतल्या वैचारीक खोली आनी भाशीक सौंदर्य हे खातीर भेटयतले.तशेंच विमला वी. पै विश्व कोंकणी कविता कृती पुरस्कार कोंकणी कवितेच्या मळार उत्कृश्ठ योगदाना खातीर शशिकांत पुनाजी हांकां अंदूंचो सन्मान जाहीर जाला.

भारत सरकाराच्या वस्त्रोद्योग मंत्रालयाच्या जोड पालवान गोय खादी आणि ग्रामोद्योग मंडळान मडगाव हांगा घडोवन हाडिल्ल्या गांधी शिल्प बाजाराचे उद्येगमंत्री मौवीन गुदीन्हो हांचे हस्तुकी उकतावण जालें. मडगावांतल्या रविंद्र भवनांत हो बाजार भरिल्लो आसून देश भरांतल्या कारागिरांनी विणील्ले कपडे थय विक्रेक दवरल्यात. उक्तावण सुवाळ्यांत उलयतना मंत्री गुदिन्हो हांणी सांगलें, थळाव्या कारागिरांक आनी पारंपारीक वेवसायांक आदार दिवप सरकाराचें मुखेल धोरण आसा. अशा कार्यावळींक लागून गांवगिऱ्या अर्थवेवस्थेक चालना मेळटाच पूण भारताचें गिरेस्त कारागीर दायज तिगोवन दवरपाकय आदार मेळटा अशें तांणी सांगले

ओल्ड गोवाच्या आयसीएआर-सेंट्रल कोस्टल ॲग्रिकल्चरल रिसर्च इन्स्टिट्यूट हांगा आज मातीच्या क्षारीकरण व्यवस्थापनावर दोन दिसांची कार्यशाळा सुरू झाली. या कार्यक्रमाचे उद्दिष्ट शेतजमिनींत चड मातीच्या क्षारतेच्या आव्हानां क तोंड दिवप आणि प्रभावित भागात उत्पादकता सुधारपाक उपाययोजनांचा शोध घेवप उद्घाटन सत्रात बोलताना, आयसीएआर, नवी दिल्लीचे उपमहासंचालक डॉ. ए. के. नायक यांनी दर्या प्रदेशात माती ची भलायकी पुनर्संचयित कर पाक आणि पीक उत्पादन वा दोवपाक शाश्वत पद्धती आणि वैज्ञानिक हस्तक्षेपांचे महत्त्व अधोरेखित केले.

मडगावच्या नामनेच्या दिंडी उत्सवाची बिरेस्तारा ३० ऑक्टोबरा सावन सुरुवात जातली . मुखेल दिंडेचो उत्सव सोमारा ३ नोवेंबराक जातलो. अंदूचो हो ११६ वो दिंडी उत्सव आसा. ही म्हायती हरिमंदिर देवस्थान समितीचे अध्यक्ष सुहास कामत हांणी दिली. अंदूसावन ह्या उत्सवाक सरकारी मान्यता आशिल्लाे उत्सव म्हूण पाळतात.
आयज मडगावा घेतिल्ल्या पत्रकार परिशदेत उलयताना कामत हांणी ३० ऑक्टोबर ते ३ नोवेंबरमेरेन चलपी ह्या उत्सवात वेगवेगळे धार्मिक, सांस्कृतिक आनी सामाजिक कार्यावळी जातल्यो अशें सांगलें. ३० आक्टोबराक धार्मिक विधीसयत या उत्सवाचे उक्तावण जाले उपरांत बायला भजन सर्त घडोवन हाडल्या. दर सांजवेळा ह्या निमतान कीर्तनाची कार्यावळ जातली. दर दिसा भजन आनी हेर कार्यावळी जातल्यो. २ नोवेंबराक पुण्यातल्या कलाकारांची भजनी बैठक जातली. जाल्यार ३ नोवेंबराक नामनेच्या गायकांच्याे गायन मैफिली जातल्याे. अंदू वर्सांचो हो सुवाळो अजित सरमळकर हांच्या अध्यक्षतेखाला मनयतले अशी म्हायती कामत हांणी दिली.

गोंयांतल्या घरगुती वा उण्या ताणांतल्या गिरायकांक टाईम ऑफ डे (टीओडी) दर लागू जावचो ना अशें वीज मंत्री सुदीन' ढवळीकार हांणी आयज घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार स्पश्ट केलां. फकत उच्च ताण आनी उद्देगीक गिरायकांक टीओडी बिलिंग पद्दती खाला हाडटले अशें तांणी स्पश्ट केलें. उर्जा कार्यक्षमताय आनी पारदर्शकता सुनिश्चीत करपा खातीर राज्यभर स्मार्ट वीज मीटर चालीक लावपा खातीर सरकार डिसेंबर म्हयन्यासावंन मुखार वता अशें ढवळीकार हांणी सांगलें. रातच्या वेळार 20% सरचार्ज आनी दिसांतल्यान 20% सवलत दिवपाच्या अहवाला उपरांत व्हड प्रमाणांत गोंदळ जाले उपरांतवी वीज मंत्र्यान संबंधित सप्श्टीकरण दिला..

२७ ऑक्टोबर ते २ नोव्हेंबर २०२५ या कालावधीत जावपी दक्षता जागरूकता सप्त काचो भाग म्हणून, आकाशवाणी पणजी,दांगा सचोटी प्रतिज्ञा दिली. अधिकारी आणि कर्मचाऱ्यांनी कामाच्या सगळ्या क्षेत्रात प्रामाणिकपणा, पारदर्शकता आणि जबाबदारी कायम दवरपाचो सोपुन घेतली. भौशिक जीवनात सचोटी वा डोवप आणि भ्रष्टाचार निर्मूलना र खातीर सामूहिक प्रयत्नां क प्रोत्साहन दिवप ह्यांचे उद्दिष्ट आहे. भ्रष्टाचारमुक्त समाज निर्माण करपाक लोकसहभागाक प्रोत्साहन दिवप या थीमखाली देशव्यापी मोहीम मनयतात

डी बी ओ एडकोन ह्यांच्या मुखेल मानांकन टेबल टेनिस सरतीत एरन फारीयास, प्रतन्या कारे, इशिता कुलासो, शौर्या देसाई हाणी आपापल्या गटात विजेतेपद पटकायले.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 29 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 23.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. गुजरात, केरळ, माहे, कोकण, गोवा, ओडिशा, रायलसीमा, तामिळनाडू पुडुचेरी, कराईकल आणि कर्नाटकच्या दर्या भागात घोग्यांनी ते अति घोग्याच्या पावसाचो अंदाज दिला.